राष्ट्रीय खबरो 24.01.2026 @ 8.40 am

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी राष्ट्रपती भवनात ग्रंथ कुटीरचे उक्तावण केले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांनी आनी संस्थांनी नव्यान भरती जाल्ल्या 61 हजारां वयर तरणाट्यांक नेमणूक पत्रां वांटतले.

इंडिया एनर्जी वीक (IEW) २०२६ ची चौथी आवृत्ती ह्या म्हयन्याच्या 27 ते 30 मेरेन गोंयांत जातली.

दादल्यांच्या क्रिकेटात काल राती रायपूर हांगा जाल्या दुसऱ्या टी-२० खेळात भारतान न्यूझीलंडाचो सात गड्यांनी पराभव केलो आणि पाच खेळाच्या मालिकेत २-० अशी आघाडी घेतली

मुर्मू

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी राष्ट्रपती भवनात ग्रंथ कुटीरचे उक्तावण केले. कुटीरात ११ भारतीय शास्त्रीय भाषांतले सुमार ५० हस्तलिखितां आणि दोन हजार तीनशे पुस्तका आसात. या संग्रहात महाकाव्या तत्वज्ञान, भाषाशास्त्र, इतिहास, शासन, विज्ञान आणि भक्ती साहित्य तसेच या भाषांमधले भारतीय संविधान यासारख्या विविध विषयांचो आसपाव आसा. या कुटीरच्या विकासाचे उद्दिष्ट विविधतेत एकतेच्या भावनेक प्रोत्साहन दितना भारताच्या समृद्ध सांस्कृतिक आणि साहित्यिक वारशाबद्दल नागरिकांमदी जागरूकता वाडोवप आसा. सभेत उलयताना राष्ट्रपती मुर्मुन म्हणले की, ग्रंथ कुटीर हे भारताच्या शास्त्रीय भाषांचे जतन आणि संवर्धन करपाक राष्ट्रपती भवनाच्या सामूहिक प्रयत्नांचो एक भाग आसा. भारतीय शास्त्रीय भाषांविषयी उलयताना या भाषांनी आधुनिक भारतीय भाषांच्या विकासात महत्त्वपूर्ण योगदान दिला अशे ताणी म्हणले. राष्ट्रपतींनी अशेय नमूद केले की विज्ञान, योग, आयुर्वेद आणि या भाषांमदी रचलेले साहित्य शेकड्यान शेकडो जगाक मार्गदर्शन करता

मोदी

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज अठराव्या रोजगार मेळाव्यात व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगां वरवी वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांनी आनी संस्थांनी नव्यान भरती जाल्ल्या 61 हजारां वयर तरणाट्यांक नेमणूक पत्रां वांटतले. तशेंच मोदी ह्या वेळार उलोवप करतले. देशभरांतल्या 45 सुवातींनी 18वो रोजगार मेला घडोवन हाडटले. रोजगार मेला हो रोजगार निर्माण करपाच्या हेतान सुरू केल्लो म्हत्वाचो सरकारी उपक्रम. सुरू जाले सावन  देशभरांत आयोजीत केल्ल्या रोजगर मेला वरवीं 11 लाखां वयर नेमणूक पत्रां जारी जाल्यांत.

Pm netaji

प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदी हाणी  काल नेताजी सुभाषचंद्र बोस हांचा  जयंती निमतान तांका  आर्गा ओपली. हो दिस  'पराक्रम दिस' म्हणून मनयतात. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यांनी , ह्या दिसा  नेताजी सुभाष चंद्र बोस हांणी राष्ट्राक दिल्लें मोलादीक योगदान धैर्य आनी संकल्पनेचो उगडास करपाखातीर हो दिस मनयतात. प्रधानमंत्री मोदी हांणी  नेताजी हे  निर्भय फुडारपण आनी अखंड देशभक्तीची  मूर्त रूप आसात आनी तांचे आदर्श पिळग्यांक एक बळिश्ट देश उबारपाची प्रेरणा दितात अशे  सांगले . byte

वेंचणूक आयोग

कर्तव्य टाळप आनी गैरवर्तणुकीच्या विशी प्रकरणांत बूथ पांवड्यावेल्या अधिकाऱ्यां आड शिस्तभंगाची कारवाय करपा संबंदी भारतीय वेंचणूक आयोगान सगल्या राज्यांच्या आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्यांक निर्देश जारी केल्यात. कर्तव्य टाळप, निष्काळजीपणा, गैरवेव्हार, आयोगाच्या सुचोवण्यांक मुद्दाम पाळो न दिवप वा लोकांचें प्रतिनिधित्व कायदो, 1950 आनी मतदार नोंदणी नेम, 1960 च्या तरतुदींचें उल्लंघन केल्यार निलंबीत करपा सयत खर कारवाय करतले

अशें आयोगान मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्यांक बरयल्ल्या पत्रांत म्हणलां. गुन्यांवकारी गैरवेव्हाराच्या प्रकरणांत, गरजे प्रमाण एफआयआर दाखल करूं येता अशेंय आयोगान स्पष्ट केला

Pm kerala

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल केरळांतल्या तिरुवनंतपुरमांत वेगवेगळे उदरगत प्रकल्प चालिक लाउन नव्या रेल्वे सेवांक पांचवो बावटो दाखयलो . प्रधानमंत्री मोदी हांणी पीएम स्वनिधी क्रेडीट कार्ड सुरू करून एक लाख लावार्थ्यांक पीएम स्वनिधीचे वितरण केलें .

IEW

इंडिया एनर्जी वीक २०२६ ची चौथी आवृत्ती ह्या म्हयन्याच्या 27 ते 30 मेरेन गोंयांत जातली. काल सांजवेळा नवी दिल्लींत जाल्ले उक्तावण परिशदेंत उलोवप करतना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलें की आयईडब्ल्यू 2026 हें उर्जा सुरक्षा, अर्थीक वाड आनी शाश्वतता हांचे खातीर भारताच्या वचनबद्धतेचें प्रतिबिंब आसा. चार दिसांच्या ह्या कार्यावळींतल्यान भारताक एक मुखेल जागतीक उर्जा केंद्र आनी जागतीक उर्जा संक्रमणांत एक विश्वासार्ह आवाज म्हूण स्थापन जातलो अशें तांणी सांगलें.

अनुराधा

७७ व्या प्रजासत्ताक दिसानिमित्त, भारतीय उच्चायोगाच्या सांस्कृतिक फाटो स्वामी विवेकानंद सांस्कृतिक केंद्रान कोलंबोतल्या नेलम पोकुना थिएटरात एक संगीतमय रातीचे आयोजन केल्ले. या वेळार लोकप्रिय हिंदी गायिका अनुराधा पौडवाल यांनी प्रेक्षकांक मंत्रमुग्ध करपी कालातीत बॉलीवूड पदां सादर केली.

शहा

केंद्रीय गृह आणि सहकार मंत्री अमित शहा आज लखनौ हांगा उत्तर प्रदेश दिन समारंभात मुखेल सोयरे म्हण उलोवप करतले. हो कार्यक्रम राष्ट्र प्रेरणा स्थळ हांगा जातलो .या वेळार शाह एक जिल्लो एक पाककृती (ODOC) योजनेचा शुभारंभ करतले. या उपक्रमांतर्गत, उत्तर प्रदेशातल्या प्रत्येक जिल्ह्यात विशिष्ट पारंपारिक पाककृती सोदतले आणि गुणवत्ता सुधारणा, ब्रँडिंग आणि बाजारपेठेतल्या प्रवेशाकडे जोडतले, जेणेकरून थकाव्या चवींक फक्त  प्रादेशिकच न्हय तर राष्ट्रीय आणि जागतिक स्तराचेरूय मान्यता मेळटली

Joshi

नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हद जोशी हांणी भारताच्या उर्जा संक्रमणाक लागून उद्देगीकीकरण, रोजगार निर्मिती आनी जागतीक स्पर्धात्मकताय वाडत आसा आनी उदरगतशील अर्थवेवस्थेचा आदर्शाची स्थापणूक जाता  अशें हाणी  सांगलां. दावोसांत जाल्ल्या संवसारीक अर्थीक माचयेर  Energy- The Great Funding Gap ह्या विशयाचेर उच्च पांवड्यावेल्या अधिवेशनांत उलोवप करतना तांणी ,प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतान नितळ  उर्जेचें रुपांतर लोक केंद्रीत उदरगत चळवळींत केलां, तेच बरोबर उर्जा सुरक्षा घटमूट केल्या आनी वीज खर्च उणो केला अशे मुखार सांगलें .

Pm swami

भगवान स्वामीनारायण हांचें जिवीत आध्यात्मिक साधना आनी निस्वार्थ सेवा ह्या दोनूय स्वरूपाचे  मूर्त रूप आशिल्लें अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. समाज, राष्ट्र आनी मनीसपणाची सेवा करपा खातीर ताच्या अनुयायां कडल्यान अगणित मोहीम सुरू आसात अशें तांणी सांगलें. भगवान स्वामीनारायणाचें जिवीत

लोकसेवेक आनी भौशीक शिक्षणाक जोडिल्लें आसा आणी  ताचें लोकजीणे खातीर अमूल्य मार्गदर्शना विषयी ते मुखार उलयलें .

पीएलआय

सरकारान धव्या वस्तूंखातीर उत्पादन-संलग्न प्रोत्साहन (पीएलआय) योजनेच्या चौथ्या फेरयेत पाच कंपन्यांची निवड केल्या ज्यांची गुंतवणूक ८६३ कोटी रुपयांची आसा. वाणिज्य आणि उद्योग मंत्रालयान सांगले की हयो पाच कंपनी एअर कंडिशनर (एसी) घटकांच्या निर्मितीत गुंतल्यात आणि आर्थिक वर्ष २०२७-२८ मेरेन एकूण ८ हजार ३०० कोटी रुपयांचे उत्पादन साध्य करतले आणि १,७९९ अतिरिक्त थेट रोजगार निर्माण करतले अशी अपेक्षा आसा

हसीना

बांगलादेश अराजकता, असुरक्षितता आणि अल्पसंख्याकांचेर जावपी अत्याचाराचो फुडो करता जमावाचो हिंसाचार आणि अतिरेकीवाद देशभर पसरत आसा अशे बांगलादेशची आदली प्रधान मंत्री शेख हसीना हाणी म्हणला. काल सांजे नवी दिल्लीत पत्रकार परिषदेत एक ऑडिओ संदेश दितना हसीना हाणी म्हणले की, सध्या बांगलादेश एका अथांग मार्गार उबोआसा आणि त्याच्या इतिहासातल्या सगळ्यात धोकादायक अध्यायातल्यान वता. मुक्त आणि निष्पक्ष वेचणुकी खातीर लोकशाय पुनर्संचयित करप, हिंसाचार आणि अराजकता सोपोवप, नागरी सेवेक योग्यरित्या कार्य करूक दिवप, धार्मिक अल्पसंख्याक गट, बायला, चलयो आणि समाजातल्या सगळ्यात असुरक्षित घटकांची सुरक्षा सुनिश्चित करप यासारक्यो कृती करपाची मागणी ताणी केली.

## तामिळनाडू

तामिळनाडू सरकार बदलपाक तयार आसा अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी महणला. द्रमुक राजवट विकास करपाक अ पेशी  थारल्या आणि भ्रष्टाचार, गुन्यावगीरी आणि घराणेशाहीच्या राजकारणान ते ग्रस्त आसा अशे ताणी मदुरंथकम हांगा एका जाहीर सभेत उलयताना म्हळे.

## स्पोर्ट्स

दादल्यांच्या क्रिकेटात काल राती रायपूर हांगा जाल्या दुसऱ्या टी-२० खेळात भारतान न्यूझीलंडाचो सात गड्यांनी पराभव केलो आणि पाच खेळाच्या मालिकेत २-० अशी आघाडी घेतली. २०९ धावड्यांचे लक्ष्य गाठताना, भारतान कर्णधार सूर्यकुमार यादवच्या ३७ चेंडूत ८२ धावांची नाबाद खेळी आणि इशान किशनच्या ३२ चेंडूत ७६ धावड्यांच्या खेळीच्या नेटार १५.२ षटकांत तीन विकेट्स वगडावन ही धावसंख्या गाठली. शिवम दुबेन १८ चेंडूत ३६ धावड्यो केल्यो

## वेदर

पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी दिल्ली हांगा दाट ते सामके दाट धुकें आशिल्ल्यान भारतीय हवामान खात्यान आयज 'ऑरेंज अलर्ट' जारी केला. तशेंच मध्य प्रदेश, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांत फाल्यां मेरेन दाट धुकें पडटलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.